<u>प्रादेशिक खबरो</u>

०९.०९.२०२५ ७.20

- 17 संप्टेंबराक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या वाढदिसा निमतान भारतीय जनता पार्टीन देशभर सेवा पखवाडा कार्यावळीचे आयोजन केला
- गोंयांतल्या लोकांनी आयआयटी सारकिल्या राष्ट्रीय प्रकल्पांक “विरोध करपा खातीर” विरोध करचो न्हय, पूण तांकां येवकार दिवचो अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- गंगा नितळ करप ही सामुहीक जापसालदारकी अशें प्रधानमंत्री मोदी हानी भर दिला
- कोंकणी तियात्र माचयेर लुईसा हया नांवान लोकप्रिय आशिल्ली नामनेची कोंकणी तियात्र अभिनेत्री आणि गायिका लुईसीना फर्नांडीस हयो आयज संवसाराक अंतरल्यो

<u>रश्मी 110</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो 17 संप्टेंबराक वाढदीस. हे फांटभुयेर 17 september -2 october हया काळात भारतीय जनता पार्टीन देशभर सेवा पखवाडा कार्यावळीचे आयोजन केला.गोंयात लेगीत सेवा पखवाडाच्या फांटभुयेर केंद्र तशेंच राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो लोकामेरेन पाववप,तशेंच स्वच्छता मोहीम,पर्यावरण संवर्धनाची कार्यावळ, तशेंच बायला आनी तरणाट्याच्या सक्षमीकरणाच्यो कार्यावळी तशेंच हेर सामाजीक कार्यावळींचे आयोजन केला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.हया उपक्रमाची पयली उक्तावणाची कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जातली.कला अकादमी ग्रामीण विकास यंत्रणा तशेंच गोंय म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्या जोडपालवान जावपी हया कार्यावळीत गोंय राज्यातल्या आप मजत गटाच्या बायलांक 60 कोटी रूपयाची अर्थिक मजत दीवपाची कार्यावळ जातली. जाल्यार समारोपाची कार्यावळ खांडोळा होस्टेलात जातली.गोंयात जावपी सेवा पखवाडा कार्यावळीवीशीची म्हायती हयावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

रश्मी/गणेश 110

गोंयांतल्या लोकांनी इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (आयआयटी) सारकिल्या राष्ट्रीय प्रकल्पांक "विरोध करपा खातीर" विरोध करचो न्हय, पूण तांकां येवकार दिवचो अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. फोंडेच्या कोडर हांगाच्या प्रस्तावीत आयआयटीक थळाव्या लोकांनी विरोध केल्ल्याचेर ते प्रतिक्रिया दिताले. शंबर टक्के साक्षर राज्य म्हूण गोंयांत राज्यांतल्या भुरग्यांच्या फुडारा कडेन लक्ष केंद्रीत करून फुडें पळोवपी मानसिकताय आसपाक जाय अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

कोणें तरी फूस लायिल्ल्यान आयआयटीक विरोध जाता. कांय लोकांक राष्ट्रीय हेताचे प्रकल्प गोंयांत जाल्ले नाकात. १०० टक्के साक्षरता आशिल्ल्या राज्यान आयआयटीक येवकार दिवंक जाय. आयआयटीचो गोंयांक लाव जातलो. राज्यांतले १० ते १२ विद्यार्थी आयज तरेकवार आयआयटींत शिक्षण घेतात, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयआयटीक तेको दितना सांगलें.

प्रसाद 50

कुर्ती खांडेपार पंचायत वाठारांतल्या रत्नदीप ऑपरेटिव्ह हाउसिंग सोसायटीच्या रहिवाशांच्या सोयी खातीर पेव्हरस आनी गटार दुरुस्ती कामाचो बुन्यादी फातर हालींच कृशी मंत्री रवी नायक हांणी घालो. आमदारांच्या निधींतल्यान सुमार 35 लाख खर्च करून हें काम हातांत घेतलां. ह्या वेळार मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें की, पंचायत वाठारांतल्या उक्त्या सुवातीं आनी पांयवाटो सोबीत करपाक आपूण सदांच प्राधान्य दिता.

गणेश 50

लोकायुक्तांची नेमणूक बेगीनूच जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.पर्वरी मंत्रालयात पत्रकार परिशदेत ते उलयतालें. अंबादास जोशी हांचो कार्यकाळ फाटल्या डिसेंबरात सोपिल्लो. ताचे उपरांत 9 म्हयने हे पद खाली आसा. लोकायुक्तपदा खातीर सरकारान नावा मागोपाची प्रक्रीया सुरू केल्या. आता मेरेन निवृत्त न्यायाधीशांची तीन नावां आयल्या. उच्च न्यायालय तशेच सर्वोच्च न्यायालयाच्या निवृत्त न्यायाधीशांची आनीक नावा मागयल्या.

सुशांत 80

सासष्टी तालुक्यात आसपावपी पारोडा पंचायतीच्यो सरपंच पावलीना फर्नांडीस आनी उपसरपंच शैलेश जोतकार हांचे आड हे पंचायतीच्या चार पंच वांगड्यांनी अविस्वास थाराव दाखल केला. हे संबंदी आयज सासाश्टी गट उदरगत अधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत नोटीस सादर केली.

ह्या अविस्वास थाराव प्रस्तावाचेर दीपक खरंगटे, नतालिनो विसोस्कर, मनीषा नायक आनी सध्याच्या सत्ताधारी गटा वांगडा आशिल्ल्या राजश्री गांवकार हांणी सय केल्या. सरपंच आनी उपसरपंच पंचायतीचे वेव्हार हाताळटा आसतना ते हेर पंच वांगड्यांक विस्वासांत घेनात आनी भौशीक कामां खातीर कार्यालयांत उपलब्ध आसनात अशी कारणां ताणी ह्या नोटीसित दिल्यात.

गंगे 80

गंगा न्हंय ही भारताची जीवन रेखा - पवित्र, शाश्वत आनी भारताचे अर्थवेवस्थेची एक म्हत्वाची नस . नरेंद्र मोदी सरकारान जून 2014 वर्सा सुरू केल्ली नमामी गंगे कार्यावळ ही गंगा न्हंयेची भलायकी पुनर्संचयित करपा खातीर एक महत्वाकांक्षी आनी समग्र उपक्रम. गंगा नितळ करप ही सामुहीक जापसालदारकी अशें प्रधानमंत्री मोदी हानी भर दिला.

सुशांत 80

भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी आयज मडगांवच्या रविंद्र भवनांत चालू आशिल्ल्या दुरुस्तीच्या कामाची पळोवणी केली. हे काम ३० ऑक्टोबर मेरेन पुराय जातले अशें ताणी सांगले.

पत्रकारां कडेन उलयतना कामत हांणी सांगलें की, दुरुस्तीचें काम वेळापत्रका प्रमाण चलता आनी कामाचो दर्जोय बरो आसा . हें काम 30 ऑक्टोबर पयलीं पुराय जातलें, ताचे आदीं दोन दीस कामाची चांचणी जातली अशेंय कामत हांणी सांगलें. रवींद्र भवनाचो संबंद कलाकार आनी सामान्य लोकांकडेन आसा. देखून हातूंत कसलीच चूक जाल्यार लोकांक तोंड दिवपाची जापसालदारकी आमीच आसतले अशें कामत हांणी सांगलें .

सुशांत 110

कोंकणी तियात्र माचयेर लुईसा ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ली नामनेची कोंकणी तियात्र अभिनेत्री आणि गायिका लुईसीना फर्नांडीस ह्यो आयज कुडचडे हांगा संवसाराक अंतरल्यो. त्यांची पिराय ६५ वर्सा आसली. नामनेचो कोंकणी तियात्र कलाकार आनी गोवा तियात्र अकादेमीचो आदलो उपाध्यक्ष विल्यम फर्नांडीस हाची ती घरकान्न. १९७५ वर्सा तिचो घरकार विल्यम फर्नांडीस हाणें बरयल्ल्या आनी दिग्दर्शीत केल्ल्या 'जीवे मोरोण' ह्या तियात्रान तिणें माचयेर पदार्पण केलें. तिचो 'दरवटो' तियात्र खूब लोकप्रिय थारलो. एक उत्कृश्ट अभिनेत्री आनी गायिका म्हूण तिणें आपली वळख स्थापन केल्ली. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी सांगलें की लुईसा फकत एक बरी कलाकार न्हय तर एक बरी व्यक्ती आसली. तिका श्रद्धांजली ओपतना तांणी सांगलें, तिचे ना जावप तियात्र मळाचे व्हड लुकसाण.

स्पोर्ट्स 50

दांडो बाणावलेच्या फुटबोल फ्रेंडस संघान घडोवन हाडिल्ले सेंट जोन बाप्तीस्त करंड फुटबोल सर्तींत मांडार खुरीस पेड्डा पंगडान आबुजा युथ क्लब पंगडाचेर २/० गोलानी जैत मेळयत सर्तीचें वस्तादपण जोडलें.सेंट जोन बाप्तीस्त इगर्जेचे फादर फादर शावीयर ईस्तीबेरो हें फायनलिच्या खेळा वेळार मुखेल सोंयरे म्हण जाल्यार मनोज केसरकर हे मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आशिल्ले

हवामान 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता. वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला